TRANSLATED COPY

**(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)**

**प्रकाशन योग्य**

**भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयांत**

**फौजदारी अपील अधिकारक्षेत्र**

**गुन्यांवकारी अपील क्र. ____ /2023**

**(खास अनुमती याचिका (सीआरएल) क्र. 915/2023)**

**मोहमद मुस्लिम उर्फ हुसेन ...अपीलकर्ता**

**विरुद्ध**

**राज्य (एन.सी.टी. दिल्ली) ...प्रतिवादी**

**न्यायनिवाडो**

**न्यायाधीश एस. रविंद्र भट**

1. खास अनुमती मंजूर केली. दोनूय पक्षांच्या वकिलांच्या सहमतीन अखेरेक अपिलाचेर सुनावणी जाली.

2. खूब वर्सां आदीं, *हुसेनारा खातून विरुद्ध गृह सचीव, बिहार राज्य*[1] हे केशींत ह्या न्यायालयान दिल्ल्या निर्णया प्रमाणें, फौजदारी आरोप आशिल्ल्या आरोपींचेर जलद न्यायचवकशी (ट्रायल) चलोवपाचो अधिकार "अनुच्छेद 21 च्या व्यापक दिश्टीकोण आनी आशय हातूंत सुचीत आसा अशी अर्थावणी ह्या न्यायालयान केल्या". अनुच्छेद 21 च्या खाला येवपी वैध कार्यपद्दत ही "फावशे, उचीत आनी न्याय्य" अशी कार्यपद्दत आसा, असो उल्लेख करून असो निर्णय दिला :

*“आतां, स्पश्टपणान एखाद्या मनशाक स्वातंत्र्या पासून वंचीत दवरूंक कायद्यान विहीत केल्ली कार्यपद्दत “फावशे, उचीत आनी न्याय्य” आसूंक शकना जो मेरेन ती कार्यपद्दत अशा मनशाच्या गुन्यांवाच्या निर्धारणा खातीर जलद न्यायचवकशी सुनिश्चीत करिना. उचीत जलद न्यायचवकशेची खात्री न दिवपी खंयचीच कार्यपद्दत “फावशे, उचीत आनी न्याय्य” मानूंक शकना आनी हे खातीर ती अनुच्छेद 21 च्या नेमांत बसना. आनी म्हणून हातूंत मातूय दुबाव ना की, जलद न्यायचवकशी, आनी जलद न्यायचवकशी म्हणल्यार उचीत वेगवान न्यायचवकशी, ही अनुच्छेद 21 त नमूद केल्ल्या जीण आनी स्वातंत्र्याच्या मुळाव्या अधिकाराचो अविभाज्य आनी गरजेचो भाग आसा. पूण, एखाद्या गुन्यांवांतल्या गुन्यांवकाराक जलद न्यायचवकशी न्हयकारली आनी अनुच्छेद 21 खाला ताच्या मुळाव्या अधिकाराचें उल्लंघन करून खूब तेंपा सावन चलपी न्यायचवकशेचो परिणाम म्हणून ताका मेळिल्ले बंदखणी वरवीं ताच्या व्यक्तीगत स्वातंत्र्या पासून वंचीत दवरपाचो यत्न केलो जाल्यार ताचो किदें परिणाम जातलो असो प्रस्न उप्रासूंक शकता.”*

3. *कद्रा पहाडिया आनी हेर विरुद्ध बिहार राज्य*[2] आनी *अब्दुल रेहमान अंतुले विरुद्ध आर. एस. नायक*[3] ह्या सारक्या हेर जायत्या न्यायनिवाड्यांनी हीं निरिक्षणां परत-परत मांडल्यांत. हातूंतले दुसरे केशींत, न्यायालयान जलद न्यायचवकशेच्या अधिकाराचेर परत भर दिला आनी खूब तेंपा सावन चलपी न्यायचवकशेंतल्या गुन्यांवकारा कडेन हेर कसलोच उपाय नाशिल्ल्यांचें सांगलें:

*“राज्य वा तक्रारदार ताचेर खटलो चलयतात. अशे तरेन हें प्रकरण योग्य तत्परतेन फुडें व्हरप हें त्या राज्याचें वा तक्रारदाराचें कर्तव्य आसा. खास करून, ह्या देशांत जंय चडशे आरोपी समाजांतल्या गरीब आनी दुर्बळ घटकांतल्यान येतात, जांकां कायद्याचें चड गिन्यान आसना, जंय अशा लोकांक जायते खेपे सक्षम असो कायदेशीर सल्लो मेळना, थंय ह्या नेमांचो वापर पुरायपणान अविवेकी थारता.*

*म्हणजे, दिल्ल्या प्रकरणांत जर एखाद्या आरोपीन जलद न्यायचवकशेची मागणी केली आनी तरीय ती मान्य केली ना, तर तो ताच्या बाजून एक संबंदीत घटक थारूं येता. पूण आमी आरोपीक ताचे जलद न्यायचवकशेच्या अधिकाराचें उल्लंघन केल्ल्याची तक्रार करपा पसून वा ताणें जलद न्यायचवकशेची मागणी करूंक ना असो आग्रो धरूंक ना ह्या कारणा वयल्यान वंचीत दवरूंक शकनात.*

4. ह्या प्रकरणांतल्या तथ्यां खातीर ह्या मुद्द्यांक म्हत्वपूर्ण अर्थ आसा. प्रस्तूत केशींत, अपीलकर्त्याची तक्रार अशी आसा की, ताणें 7 वर्सां परस चड काळ बंदखण भोगल्या आनी कायदेशीर चवकशी अशी-तशी अर्द्यारूच पावल्या, हें लक्षांत घेवन सद्याच्या प्रकरणांत ताचो जामिना खातीरचो अर्ज उच्च न्यायालयान न्हयकारूंक जायना आशिल्लो. अपीलकर्त्याचेर घुंवळी वखदां आनी मनप्रभावी पदार्थ अधिनेम 1985 (नार्कोटीक ड्रग्ज एण्ड सायकोट्रॉपीक सबस्टन्सीस एक्ट) (हे उपरांत "एन. डी. पी. एस. अधिनेम") च्या कलम 20, 25 आनी 29 खाला दंडनीय गुन्यांव केल्ल्याचो आरोप आसा. फौजदारी प्रक्रिया संहितेच्या (हे उपरांत "फौ. प्र. सं.") कलम 439 वांगडा वाचिल्ल्या कलम 482 खाला दिल्ली उच्च न्यायालया मुखार नियमीत जामीन मेळचो हे खातीर केल्लो ताचो अर्ज आक्षेपीत निकाला वरवीं[4] न्हयकारलो. ह्या प्रकरणांतल्या निर्णया खातीर हेर कांय म्हत्वाचीं तथ्यां आसात, तीं म्हणल्यार अटकेच्या वेळार अपीलकर्तो 23 वर्सांचो आशिल्लो. ते भायर ताचे कडेन घुंवळी वखदां सांपडूंक नासलीं, हेर वांगडी आरोपीं कडेन सांपडिल्लीं.

5. 28.09.2015 दिसा, गुप्त माहितीच्या आदाराचेर पुलिसांनी छापो घालून नितेश एक्का, संजय चौहान, शरीफ खान आनी विरेंदर शाकियार/साक्यबार उर्फ दीपक ह्या चार आरोपींक तांचे कडेन 180 किलोग्राम *गांजा* सांपडिल्ल्याच्या आरोपा वयल्यान अटक केली असो फिर्यादी पक्षान आरोप केला. चवकशे वेळार, सहआरोपींक वळखुपा खातीर, आरोपी नितेश एक्का हाका पुलीस छत्तीसगडाक घेवन गेले. ताच्या सांगण्या वयल्यान सद्याचो अपीलकर्तो मोहम्मद मुस्लिम हाका 03/04.10.2015 चे मध्यरातीं अटक केली. फुडल्या तपासा प्रमाणें हेर तीन सहआरोपी (विरेंदर

सिंग उर्फ बीरे, शांतिलाल टिग्गा उर्फ गुड्डू आनी नेपाल यादव उर्फ टोनी पहलवान) हांकांय अटक केली. विरेंदर सिंग उर्फ बीरे हो *गांजा* विकतो घेतालो आनी नेपाल यादव उर्फ टोन पहलवान हाका दिवचे पयलीं, मोहम्मद मुस्लीम, शांतिलाल टिग्गा उर्फ गुड्डू आनी नितेश एक्का आनी तांच्या इश्टांच्या आनी घरच्यांच्या बँक खात्यांनी हस्तांतरण करतालो असो फिर्यादी पक्षाचो खटलो आसा. एन.डी.पी.एस. अधिनेमाच्या कलम 20/ 25/ 29 आनी भारतीय दंड संहितेच्या कलम 120बी खाला आरोपपत्र 29.02.2016 ह्या दिसा दाखल केलें आनी अपीलकर्ता आनी हेप सहआरोपीं आड 05.07.2016 ह्या दिसा आरोप निश्चीत केले. वादकथना प्रमाणें, 01.08.2016 आनी 8.11.2017 ह्या दिसा दोन पुरवणी आरोपपत्रांय दाखल केलीं.

6. आरोप केल्ल्या गुन्यांवांची गंभीरताय, शिक्षेची तिव्रताय आनी अपीलकर्त्याची कथीत भुमिका ह्या आदाराचेर जिल्लो न्यायालयान[5] अपीलकर्त्याचो जामीन अर्ज न्हयकारलो. हो गुन्यांव करपा खातीर तो हेर सहआरोपींच्या सदांच संपर्कांत आशिल्लो तशेंच म्हत्वाच्या साक्षिदारांची चवकशी अजून मेरेन जावंक ना अशेंय नमूद केलें.

7. हे खातीर त्रस्त जाल्ल्या अपीलकर्त्यान उच्च न्यायालयांत धांव घेतली. आक्षेपीत निकालांत अशें नोंद केलां की, सद्याचो आरोपी प्रथमदर्शनी हेर सहआरोपींच्या नियमीत संपर्कांत आशिल्लो अशें कॉल रिकॉर्डा वरवीं दिसून आयलां, आनी मुख्य आरोपी विरेंदर सिंग उर्फ बीरे हाणें आपल्या बँक खात्यांतल्यान खूब फावटीं अपीलकर्त्याच्या बँक खात्यांत दुडू हस्तांतरीत केल्ले. सद्याच्या अपीलकर्त्या कडल्यान रु. 50,000 मेळिल्ल्याचो उल्लेख एका साक्षिदारान न्यायचवकशे वेळार केलो. ताच्या विरुद्ध प्रथमदर्शनी खटलो आसा आनी एन.डी.पी.एस. अधिनेमाच्या कलम 37 च्या आडवादांचेर अवलंबून रावपाचें कांयच कारण ना अशें सांगलां आनी म्हणून नियमीत जामिना खातीरचो अर्ज न्हयकारलो आनी न्यायचवकशी (ट्रायल कोर्ट) न्यायालयाक खटलो ताकतिकेन चलोवपाचो आनी स म्हयन्यां भितर पुराय करपाचो आदेश दिलो. त्रस्त जावन अपीलकर्ता ताची सुदारीत नियमीत जामीन मंजूर करपी याचिका आतां ह्या न्यायालया मुखार घेवन आयला.

8. अपीलकर्त्याक चड काळा खातीर बंदखण भोगची पडली, म्हूण ताका जामीन मेळपाचो अधिकार आसा, अशी विनंती अपीलकर्त्याचे वतीन हजर आशिल्ली विद्वान वकील श्रीमती तानया अगरवाल हांणी केली. तशेंच आनीक 34 साक्षिदारांची चवकशी जावपाची उरल्या. उच्च न्यायालयाच्या, खटल्याची गती वाडोवपाच्या आदेशा उपरांतूय खटल्याची थोडीशी किंवा कांयच  प्रगती जाल्ली ना. मुखेल आरोपी विरेंदर सिंग उर्फ बीरे आनी सहआरोपी नेपाल यादव हांकां उच्च न्यायालयान[6] हे आदींच जामीन मान्य केल्ल्याचें वकिलान न्यायालयाचे नदरेक हाडून दिलें. तशेंच वकिलान समानतेच्या आदाराचेर जामिनाची विनंती केली.

9. राज्याची बाजू मांडपी भारताचे तज्ञ अतिरिक्त सॉलिसिटर जनरल श्री. विक्रमजीत बॅनर्जी हांणी एन.डी.पी.एस. अधिनेमाच्या कलम 37 चो उल्लेख करून जामीन दिवपाक खर विरोध केलो. मुखेल आरोपी विरेंदर सिंग उर्फ बीरे हाचे कडेन संबंदीत कॉल रेकॉर्ड आनी बँक वेव्हारा वयल्यान अपीलकर्त्याचो ह्या गुन्यांवांत सक्रीय वांटो आसा अशें तांणी सांगलें. ए.एस.जी. न सादर केल्ले प्रमाणें अशीं प्रकरणां चडूच हुस्को करपा सारकीं आसतात, कित्याक तर अशा प्रकरणांतले आरोपी घुंवळीं वखदांच्या विक्री जाळ्यांत घुस्पल्ले आसतात अशें म्हणटात. बेकायदेशीर घुंवळीं वखदांच्या विक्री आनी वापरा विरुद्ध लोकहीत संरक्षण, आरोपीच्या वैयक्तीक स्वातंत्र्या बद्दलचे चिंते परस व्हड आसता आनी हे खातीर अपीलकर्त्याचें सेगीत बंदखणींत आसप न्याय्य थारता. भौशीक सुवेवस्था राखूंक आनी घुंवळी वखदांच्या वेव्हारा सारक्या गंभीर गुन्यांवाची पुनारावृती थांबोवपा खातीर एन.डी.पी.एस. कायद्याच्या कलम 37 सारकी तरतूद ह्या न्यायालयान कायम दवरल्या. अपीलकर्त्याची भुमिका जरी तो सहआरोपी आसलो तरी प्रमूख आसा कित्याक तर तो छत्तीसगडांतल्यान घुंवळे वखदांचो पुरवण आनी वितरण करपा फाटलो सुत्रधार आशिल्ल्याचें दिसून येता, अशेंय विद्वान ए.एस.जी. न सादर केलें.

**विश्लेशण आनी निश्कर्श**

10. एन.डी.पी.एस. अधिनेमाचें कलम 37 सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसा:

*“अपराध दखलपात्र आनी अजामीनपात्र आसप - (1) फौजदारी प्रक्रिया संहिता, 1973 त किदेंय अंतर्भूत आसलें तरी -*

*(ए) ह्या अधिनेमा खाला दंडनीय असो दरेक गुन्यांव दखलपात्र आसतलो;*

*(बी) ह्या अधिनेमा खाला पांच वर्सां वा चड तेंपाची बंदखण फावो जाल्ल्या गुन्यांवांतल्या खंयच्याच गुन्यांवकाराक जामिनार वा स्वताच्या हमीपत्रार सोडचे नात, खेरीत-*

*(i) अशे मुक्ततेच्या अर्जाक विरोध करपाची सरकारी अभियोक्त्याक संद दिल्या, आनी*

*(ii) जंय  सरकारी अभियोक्त्यान अर्जाक विरोध केला, तो मनीस अशा अपराधा खातीर दोशी ना अशें मानपाक फावोशीं कारणां आसात आनी जामिनाचेर सुटिल्लो आसतना तो कसलोच गुन्यांव करचो ना अशी खात्री न्यायालयाक आसा.*

*(2) उपकलम (1) च्या पोटकलम (बी) त निर्दिश्टीत केल्ल्यो जामीन दिवपा वयल्यो मर्यादा ह्यो फौजदारी प्रक्रिया संहिता 1973 वा त्या काळापुरतो लागू आशिल्लो हेर खंयचोय कायदो वा जामीन मंजूर करपा संबंदीच्या मर्यादां व्यतिरिक्त चड मर्यादा आसतल्यो.”*

11. ह्या प्रकरणांत, जशें आसा तशें, अपीलकर्त्याक लग्न सुवाळ्यां खातीर[7] आनी ताच्या दुयेंत आवयची[8] कुयदाद घेवपा खातीर त्या - त्या वेळार मंजूर केल्लो अंतरीम जामीन सोडलो जाल्यार, तो 03.10.2015 दिसा सावन बंदखणींत आसा. ह्या न्यायालयान *मध्य प्रदेश राज्य विरुद्ध काजड* [9] हे केशींत, एन.डी.पी.एस. अधिनेमाच्या कलम 37 चेर उलयतना अशें निरिक्षण नोंदयल्लें की, “उदारमतवादी” दिश्टीकोण आपणावन घेवचो न्हय:

*“जामीन न्हयकारप हो नेम आनी ताची मंजुरी आनी आडवाद  कलम 37 (1) च्या पोटकलम (बी) च्या उप-पोटकलम (ii) खाला आसा. जामीन मंजूर करपा खातीर, न्यायालया मुखार सादर केल्ल्या नोंदींच्या आदाराचेर, आरोपी जाचेर गुन्यांव केल्ल्याचो आरोप आसा, तातूंत तो दोशी ना आनी जामिनार सुटिल्लो आसतना तो कसलोच गुन्यांव करपाची शक्यताय ना अशें मानपा खातीर फावोशीं कारणां आसात, हाचेर न्यायालयान समाधानी जावप गरजेचें आसा. कलम 37 च्या उपकलम (1) च्या पोटकलम (बी) त निर्दिश्टीत केल्ल्यो जामीन मंजूर करपाच्यो अटी, फौजदारी प्रक्रिया संहिता वा सद्या अंमलांत आशिल्ल्या हेर खंयच्याच अधिनेमा खाला प्रदान केल्ल्या जामीन मंजूर करपाच्यो अटीच्या मर्यादां भायर आसात, हें लक्षांत घेवपाक जाय.”*

12. हेच खातीर ह्या न्यायालयाक, एन.डी.पी.एस. अधिनेमाचे चौकटेंत रावन, खास करून कलम 37 खाला, अपीलकर्त्याच्या जामिनाच्या दाव्याचेर विचार करचो पडटलो. *सुप्रीम कोर्ट लिगल एड कमिटी (रिप्रेसेन्टीन्ग अण्डरट्रायल प्रिझनर्स) विरुद्ध युनियन ऑफ इंडिया*[10] हे केशींत ह्या न्यायालयान कांय म्हत्वाचीं निरिक्षणां नोंद केलीं, जीं एन.डी.पी.एस. अधिनेमाच्या खाला गुन्यांवांतल्या आरोपींक जामीन न्हयकारपाच्या संदर्भांत आसात आनी सद्याच्या प्रकरणा कडेन संबंदीत आसात:

*“हे तरतुदेच्या कठोर भाशे खातीर अधिनेमा खाला कांय गुन्यांवाचो आरोप आशिल्ल्या खूब उण्या लोकांक जामीन मेळूंक शकला. आतां एके वटेन जामीन न्हयकारप आनी दुसरे वटेन न्यायचवकशेचे सुनावणेक कळाव करप हें स्पश्टपणान अन्यायकारक आनी अयोग्य थारता आनी अधिनेमाच्या कलम 36(1), संहितेच्या कलम 309 तशेंच संविधानाच्या अनुच्छेद 14, 19 आनी 21 च्या हेतूच्या विरोधांत*

आसा. आमकां अधिनेमाच्या कलम 37 तल्या वैधानीक तरतुदीची जाणीव आसा, जातूंत अधिनेमाच्या खाला गुन्यांवाचो आरोप आशिल्ल्या मनशाची सुटका करचे आदीं खंयच्यो अटी पुराय करच्यो पडटात तें नमूद करून दवरलां. खरें म्हणल्यार आमी न्यायनिवाड्याच्या पयलींच्या भागांत ह्या कलमाचो उल्लेख केला. कर्तार सिंग विरुद्ध पंजाब राज्य [(1994) 3 एस.सी.सी. 569] ह्या प्रकरणांतल्या घटनापिठान टाडा अधिनेमाच्या कलम 20 तल्या अश्याच तरतुदींचेर दिल्लो अर्थूय आमी लक्षांत दवरला. ही तरतूद आसतना लेगीत, प्रामुख्यान अनुच्छेद 21 ची मागणी लक्षांत दवरून वयर नमूद केल्ले प्रमाणें निर्देश दिल्यात की जलद न्यायचवकशेच्या अधिकारा खातीर कांय प्रकरणांत कायदेशीर कारवाय पुरायपणान रद्द करपाची गरज उप्रासूंक शकता, जशें ह्या न्यायालयाच्या घटनापिठान ए. आर. अंतुले विरुद्ध आर. एस. नायक [(1992) 1 एस.सी.सी. 225] हे केशींत म्हणलां की कांय प्रकरणांत अनुच्छेद 21 खाला जामिनार सोडप हाका जलद न्यायचवकशीच्या अंतर्भूत करूं येता. ज्या आरोपीचे न्यायचवकशेक आदींच सुचीत केल्ल्या कारणां खातीर थारावीक वेळा परस चड उशीर जाला, तांचे वयली कारवाय रद्द करून तांची सुटका करपाची तोंकाची विनवणी स्विकारपाक आमी इत्सूक नाशिल्ल्यान, आमकां अशें दिसता की जलद सुनावणी सुनिश्चीत केल्या बगर वैयक्तीक स्वातंत्र्या पसून वंचीत उरप सुद्दां अनुच्छेद 21 त हमी दिल्ल्या अधिकारां कडेन सुसंगत ना. अशा प्रकरणांत वैयक्तीक स्वातंत्र्या पसून कांय प्रमाणांत वंचीत रावप टाळूंक शकना; पूण प्रलंबीत जावपी न्यायचवकशेचो वंचीत उरपाचो काळ गरजे भायर लांबल्यार अनुच्छेद 21 त हमी दिल्ल्या निश्पक्षतेक धक्को बसतलो. हेच खातीर आमकां अशें दिसलें की, जेन्ना आरोपी मनशाक एखाद्या गुन्यांवा खातीर भोगिल्ली बंदखण, त्या गुन्यांवा खातीर दिल्ल्या चडांत चड ख्यास्तीची अर्दी जाल्ली आसल्यार, वैयक्तीक स्वातंत्र्या पसून आनीक चड काळ वंचीत दवरप अनुच्छेद 21

*त कल्पना केल्ल्या मुळाव्या अधिकाराचें उल्लंघन थारतलें, जाची दुरद्दश्टी अनुच्छेद 14 त हमी दिल्ल्या अधिकारा कडेन करूंक जाय, जें प्रक्रियात्मक बाबतींत न्याय, निश्पक्षता आनी तर्कसंगततेचें आश्वासन दिता."*

13. जेन्ना कायद्याच्यो तरतुदीं आरोपीच्या जामीन मेळोवपाच्या अधिकाराक आनी ते प्रमाणें न्यायालयाचे विवेकबुद्दीक आडखळ हाडटात (सद्याच्या प्रकरणांत एन.डी.पी.एस. अधिनेमाच्या कलम 37 प्रमाणें), तेन्ना *वामन नारायण घिया विरुद्ध राजस्थान राज्य* [11] (*"गुन्यांव केल्ल्याचो आरोप आशिल्ल्या मनशाच्या स्वातंत्र्याचेर निर्बंध घालपाचो पुलिसांचो अधिकार आनी कथीत गुन्यांवकारांचे वटेन निर्दोश आशिल्ल्याचो समज हातूंतल्या संघर्शांतल्यान जामिनाची संकल्पना उत्पन्न जाता"* ) प्रकरणांत नमूद केल्ले प्रमाणें, ह्या न्यायालयान तांकां दोन प्रतिस्पर्धी मुल्यां, म्हणजे निर्दोशतेच्या गृहीतकाचेर आदारीत आरोपीचो स्वातंत्र्य मेळोवपाचो अधिकार आनी समाजीक हीत-संबंद हांचो मेळ घालपा खातीर कायम दवरलां. त्याच वेळार न्यायचवकशी बेगोबेग पुराय करपाचे अटीचेर तांकां कायम दवरलां. घटनापिठान *कर्तार सिंग विरुद्ध पंजाब राज्य*[12] ह्या प्रकरणांत ह्या संदर्भांत निरिक्षणां केल्यांत. ह्या न्यायालयान, *शाहीन वॅलफॅयर असोसिएशन विरुद्ध युनियन ऑफ इंडिया*[13] ह्या प्रकरणांत, परत तीच भावना व्यक्त केली, म्हणजे जेन्ना कडक तरतुदीं अंमलांत हाडटात, जामिनाच्यो तरतुदीं उण्यो करतात आनी न्यायीक विवेकबुद्दी मर्यादीत करतात, ते ह्या आदाराचेर की तपास आनी न्यायचवकशी वेगान पुराय करतले. न्यायालयान सांगलां की संसदीय हस्तक्षेप सकयल दिल्ल्या गजालींचेर आदारीत आसात:

> *"दहशतवादी आनी विघटनकारी कारवायो वा समाजा खातीर घातक थारपी हेर कृतीं पसून समाजाचें आनी देशाचें संरक्षण करपा खातीर कांय प्रमाणांत, न्यायचवकशी चलपी आरोपीच्या वैयक्तीक स्वातंत्र्याचो त्याग करपाचो जाणीवपूर्वक निर्णय विधीमंडळान घेतला. अशा गुन्यांवांचो तपास कार्यक्षमतेन जावप आनी अशा गंभीर गुन्यांवांत आरोपी आशिल्ल्या मनशाचेर कारवाय करपा*

*खातीर फावो अशे संख्येचे थारावीक न्यायालयां स्थापन करप चड गरजेचें. घातक कृतीं पासून समाजाचें संरक्षण करपाचो हो एकमेव मार्ग. हे, निम्हणे निर्दोश सांपडिल्ल्या मनशाक विनाकारण चड तेंपा खातीर बंदखणींत दवरु ना हाची खात्री करतले."*

14. हालींच दिल्ल्या एका निर्णयांत, बेकायदेशीर कृत्यां (प्रतिबंध) अधिनेम, 1967, खाला जामिनाचेर विचार करतना, *युनियन ऑफ इंडिया विरुद्ध के. ए. नजीब*[14] ह्या प्रकरणांत न्यायालयान अशें निरिक्षण नोंद केलें की:

> *"12. दहशतवादी आनी विध्वंसक कारवायो (प्रतिबंध) अधिनेम 1987 वा घुंवळीं वखदां आनी मनप्रभावी पदार्थ अधिनेम 1985 ("एन. डी पी एस अधिनेम") ह्या सारक्या खाशेल्या कायद्यांते बाबतींतय, जातूंत जामीन मंजूर करपा खातीर कांय कडक अटी आसात, ह्या न्यायालयान परमजित सिंग विरुद्ध राज्य (एन सी टी ऑफ दिल्ली), (1999) 9 एस सी सी 252], बब्बा विरुद्ध महाराष्ट्र राज्य, (2005) 11 एस सी सी 569 आनी उमरमिया विरुद्ध गुजरात राज्य, (2017) 2 एस सी सी 731 ह्या प्रकरणांत न्यायचवकशी बेगीन पुराय जावपाची शक्यताय उणी आशिल्ल्यान आरोपी वाडीव काळा खातीर बंदखणींत आसतना, तांकां जामिनाचेर सोडिल्ले. अशा खास कायद्यांत जामिना खातीर कडक अटींची संविधानिकता, अशे तरेन, निश्पाप नागरिकांचें संरक्षण निश्चीत करपा खातीर जलद न्यायचवकशेच्या आदारस्तंभाचेर मुखेलपणान योग्य थारल्या."*

यू.ए.पी.ए चें कलम 43-डी(5) सारके संविधीक निर्बंध, मुळाव्या (मुलभूत अधिकारांच्या उल्लंघनाच्या आदाराचेर जामीन दिवपाच्या संविधानीक न्यायालयाचे क्षमतेंत आडखळ हाडूंक शकनात असो निश्कर्श न्यायालयान दिला.

15. *विजय मदनलाल चौधरी विरुद्ध युनियन ऑफ इंडिया*[15] हे केशींत नोंद जाल्ल्या न्यायनिवाड्यांत, ह्या न्यायालयान अर्थीक गैरवेव्हार प्रतिबंध अधिनेम, 2002 खाला जामिनाच्या अटींचो विचार करतना अशें म्हणलां, की:

> *"जर, संसद/विधीमंडळ कडक अटी पूर्ण केल्या बगर, जामीन न दिवपाच्या कडक तरतुदीची तजवीज करता, तर कमीत कमी आरोपीक कायद्यान संबंदीत गुन्यांवा खातीर निर्दिश्टीत केल्ल्या बंदखणीचो चडांत चड काळांतलो अर्दो काळ मेरेन अटकेंत दवरपा आदीं अशा न्यायनिवाड्यांक प्राधान्य मेळटलें आनी फावो त्या वेळा भितर ते पूर्ण जातले हाची खात्री करप, हें राज्याचें बंधनकारक कर्तव्य थारता."*

16. सामकें हालीचें प्रकरण म्हणल्यार *सतेंद्र कुमार अंतिल विरुद्ध केंद्रीय अन्वेशण विभाग* [16] ह्या प्रकरणांतल्या निर्णया कडेन चड लांबिल्ली बंदखण आनी सुमारा भायर कळाव जाल्ल्यान न्यायालयाचें लक्ष ओढून घेतलें. जातूंत एन.डी.पी.एस. अधिनेमाच्या कलम 37 सयत हेर जायत्या अधिनेमांच्या संदर्भांत जामिना बाबतींत योग्य दिश्टीकोनाचोय विचार केल्लो. न्यायालयान अशें मत उक्तायलें, की फौजदारी प्रक्रिया संहिता, 1973 चें कलम 436ए[17] (जातूंत थारायिल्ल्या वेळा भितर न्यायचवकशी पूर्ण जावंक ना जाल्यार आरोपीक जामिनाचेर मुक्त करप गरजेचें थारता) लागू जातलो:

> *"आमकां प्रत्येक कायद्याचो विचार करपाचो ना कारण प्रत्येक खाशेल्या कायद्या फाटल्यान एक उद्देश आसता, जाच्या वांगडा कठोरताय लेगीत येता. कळाव*

*नियामीत करपी सामान्य तत्व ह्या श्रेणींकूय लागू जाता. हें स्पश्ट करपा खातीर, संहितेच्या कलम 436-ए तली तरतूद खंयच्याय विशिश्ट तरतुदींचे अनुपस्थितींत खाशेल्या कायद्यांकूय लागू जाता. देखीक, एन.डी.पी.एस. अधिनेमाच्या कलम 37 खाला प्रदान केल्ली कठोरताय अशा प्रकरणांत आडखळ हाडची ना, किद्याक तर आमी एखाद्या मनशाचे स्वातंत्र्य हाताळटा. आमकां अशें दिसता की जितली कठोरताय चड, तितलो निर्णय बेगीन जावंक जाय. खरेंच, अशे तरेच्या प्रकरणांत साक्षिदारांचो आंकडो खुबूच उणो आसतलो आनी न्यायचवकशी लांबणेर घालपाक कसलेंच कायदेशीर स्पश्टीकरण नासतलें. घडये हे प्रक्रियेक गती दिवंक आनी संहितेच्या कलम 309 चें कठोर पालन करूंक, ह्या न्यायालयाच्या निर्देशांचें पालन करपाची आवश्यकताय आसा.”*

17. ह्या प्रकरणांतल्या तथ्यां वयल्यान अशें दिसून येता की, नितेश एक्का हाचे सयत हेर चार सहआरोपीं कडल्यान तारीख 28.09.2015 ह्या दिसा *गांजा* जप्त केल्लो. सद्याच्या अपीलकर्ताक, नितेश एक्काच्या सांगण्या वयल्यान आनी ताच्या जबानी वयल्यान अटक केल्ली. फिर्यादी पक्ष ते जबानीचेर तशेंच सद्याच्या अपीलकर्ताचे कबुली जबाबाचेर अवलंबून रावला, तेच वांगडा, ते विरेंदर सिंग उर्फ बीरे हाच्या बँक विवरणपत्राचेर अवलंबून आसात, जाणें कथीतपणान उघड केलें की अपीलकर्ताक दुडू हस्तांतरीत करताले. ह्या उलट फिर्यादी पक्षान अपीलकर्ता कडल्यान आनीक कांयच जप्त करूंक ना; ह्या प्रकरणांतलो तो एक सुत्रधार ह्या ताच्या वयल्या आरोपाक, अंमली पदार्थांचो व्यापक वेव्हार केल्ल्याचे बाबतींत, कसल्याच पुराव्याचें समर्थन ना, तशें आशिल्लें जाल्यार तें फावोशा प्रमाणान मुखार येतलें आशिल्लें. फिर्यादी पक्षान हेर कसल्याच प्रकरणांत अपीलकर्ताचो सहभाग आशिल्ल्याचें सांगूंक ना. तशेंच, अटके वेळार तो वयल्या वयर पळयल्यार 23 वर्सांचो आशिल्लो. हें निर्विवाद सत्य आसा की दोन सहआरोपी (जे छाप्या वेळार उपस्थीत नासले आनी जांचे कडल्यान कसलोच बेकायदेशीर पदार्थ जप्त करूंक नासलो) – आरोपी (विरेंदर

सिंग उर्फ बीरे) जाणें *गांजाची* रक्कम म्हणून अपीलकर्ताच्या खात्यांत दुडू हस्तांतरीत केल्ले आनी आरोपी (नेपाल यादव उर्फ टोनी पहलवान) जाचे कडल्यान मूळ विम्याचीं कागदपत्रां आनी गाडयेचें नोंदणीकरण प्रमाणपत्र जप्त केल्लें, जे गाडयेंतल्यान बेकायदेशीर पदार्थ जप्त करून प्राप्त केल्लो[18]. ह्या दोगांयकूय जामिनाचेर सोडिल्ले. अपीलकर्ता 7 वर्सां 4 म्हयन्यां परस चड काळा सावन बंदखणींत आसा. न्यायचवकशेची प्रगती गोगलगाय गतीन चल्ल्या: 30 साक्षिदारांक तपासल्यात, तर आनीक 34 साक्षिदारांची तपासणी करपाची उरल्या.

18. न्यायालयांनी ज्या अटींची दखल घेवंक जाय ती अशी आसा की आरोपी "अशा गुन्यांवां खातीर दोशी ना" आनी तो जामिनाचेर आसतना कसलोच गुन्यांव करपाची शक्यताय ना हाचेर विश्वास दवरूंक फावोशीं कारणां आसात. जेन्ना सगळे पुरावे न्यायालया मुखार नासतात तेन्ना 'दोशी नासप' म्हणल्यार किदें? ही फकत प्रथमदर्शनी (वयले वयर) थारावणी आसूं येता. हें न्यायालयाचे विवेकबुद्दीक सामकी कमी मर्यादा प्रदान करता. जामिना वयल्या सामान्य कायद्याचो महादेश (फौ. प्र. सं. कलम 436, 437, आनी 439) जीं गुन्यांवांचे गंभीरतेच्या आदाराचेर वर्गीकरण करता आनी अशे निर्देश दिता की, जामीन अर्जाचेर विचार करतना कांय गंभीर गुन्यांवांक वेगळे पद्दतीन हाताळचें पडटा, आरोपी (जो कायदेशीर रित्या निर्दोश आशिल्ल्याचें गृहीत धरतात) दोशी न्हय ह्या अतिरिक्त अटीची न्यायालयाक खात्री पटपाक जाय, ह्याचो तर्कशुद्ध अर्थ लावपाक जाय. फुडें, खाशेल्या कायद्यां खाला (एन.डी.पी.एस. अधिनेम आनी हेर) केल्लें गुन्यांवांचें वर्गीकरण, हें सामान्य जामिनाच्या अटीं बगर लागू जाल्ल्यान, ताचें न्यायालयान मुल्यांकन करप गरजेचें आनी ते खातीर न्यायालयान आपलें समाधान नोंदोवप गरजेचें आसा की आरोपी घडये गुन्यांवा खातीर दोशी नासतले आनी सुटका जातकीर ते कसलोच गुन्यांव करपाची शक्यताय ना. ह्या दोन परिस्थितींचो प्रभाव हेर परिस्थितींचेर पडटा. जामीन मागिल्ल्या प्रकरणांत: खून, अपहरण, बलात्कार आनी हेर गंभीर गुन्यांवांतूय न्यायालय गुन्यांवांचें स्वरूप, आरोपी तपासांत सहकार्य करपाची शक्यताय, न्याया पसून पळून न वचप ह्या सारक्या अभिलेखां वयल्या तथ्यांचें मुल्यांकन करता. दुसरे वटेन अशा खाशेल्या कायद्यां खाला येवपी प्रकरणांत न्यायालयाक प्रामुख्यान दोन तथ्यांचेर लक्ष दिवचें

पडटा: आरोपींचो संभाव्य अपराध आनी सुट्टकीच तांणी कसलोच गुन्यांव न करपाची शक्यताय. ह्या न्यायालयान सामान्यपणान अश्यो अटी कायम दवरल्यात की अशा नागरिकांचें स्वातंत्र्य- खाशेल्या कायद्या खाला अधिनियमीत केल्ल्या गुन्यांवांचो आरोप आशिल्ल्या प्रकरणांत- लोकहिता विरुद्ध संतुलीत आसचें पडटलें.

19. कलम 37 खाला येवपी अटींचो सादो आनी शब्दशा अर्थावणी केल्यार (म्हणल्यार आरोपी दोशी न्हय आनी तो कसलोच गुन्यांव करचो ना, अशें न्यायालयाचें समाधान जावपाक जाय) प्रभावीपणान जामीन मंजूर करप पुरायपणान भायरावंक शकता, जाचो परिणाम म्हणून दंडात्मक स्थानबद्दता आनी विनामंजुरी प्रतिबंधात्मक स्थानबद्दता जावंक शकता. म्हणुनूच, एकूच मार्ग असो आसा की कलम 37 खाला अधिनियमीत केल्ल्या अश्या खाशेल्या अटींचो घटनात्मक निकशां प्रमाणें विचार करूं येता, जातूंत अभिलेखांतल्या तथ्यांचेर प्रथमदर्थनी नदर घाल्यार (जेन्ना - जेन्ना जामीन अर्ज करतात) आरोपी दोशी न्हय अशें न्यायालयाचें फावोशें समाधान जाता. हेर खंयचीय अर्थावणी केल्यार, एन.डी.पी.एस. अधिनेमाच्या कलम 37 खाला अधिनियमीत केल्ल्या गुन्यांवा सारक्या गुन्यांवांचो आरोप आशिल्ल्या मनशाक जामीन पुरायपणान न्हयकारतले.

20. ते खातीर विचार करपा सारकें एक मानक म्हणल्यार, न्यायालयाक तथ्यां कडेन व्यापक पद्दतीन पळोवन आरोपीचो दोश सिद्ध जावंक शकता काय ना हें फावोशा प्रमाणांत पळोवचें पडटलें. म्हणून ह्या न्यायालयाच्या निकालांनी हे गजालीचेर भर दिला की न्यायालयांनी जें समाधान नोंदोवप अपेक्षीत आसा, म्हणजे आरोपी दोशी आसूंक शकना, तें फकत प्रथमदर्शनी आशिल्ल्यान फावोशा वाचनाचेर आदारिल्लें आसा, जें तपासा मजगतीं एकठांय केल्ल्या पुराव्यांची खोलायेन तपासणेची मागणी करिना (*युनियन ऑफ इंडिया विरुद्ध रतन मलिक*[19] केशींत सांगिल्ल्या प्रमाणें). एन.डी.पी.एस. अधिनेमा खाला येवपी गुन्यांवांकूय लागू आशिल्ल्या कलम 436ए ची अनिवार्यता लक्षांत घेतना, न्यायचवकशेच्या सुमारा भायर कळावा खातीर जामीन मंजूर करप हें अधिनेमाच्या कलम 37 वरवीं अवरोधीत करप शक्य जायना (संदर्भ वयर उल्लेखीत *सतेंदर कुमार अंतिल*). ह्या

घटनांचो विचार करतना, न्यायालयाचें अशें मत आसा की ह्या प्रकरणांतल्या तथ्यांत, अपीलकर्ताक जामिनाचेर सोडप योग्य आसा.

21. सोंपोवचे पयलीं, एके गजालीचेर उजवाड घालप गरजेचो आसा की, जामीन मान्य करपा खातीर कठोर अटी घालपी कायदे भौशीक हिता खातीर जरी गरजेचें आसलें; तरी, जर न्यायचवकशी वेळांत पूर्ण जाली ना जाल्यार मनशाचेर जाल्लो अन्याय अपरिमीत आसता. बंदखणी हिसपा भायर भरल्यात आनी थंयची रावपाची स्थिती खूब फावटीं भिरांकूळ आसता. केंद्रीय गृह मंत्रालयान संसदेक दिल्ले जापे प्रमाणें, राष्ट्रीय गुन्यांव अभिलेख ब्युरोन सांगलें की, तारीख 31 डिसेंबर 2021 मेरेन देशांतल्या बंदखणींनी 4,25,069 इतले एकूण क्षमतेचे तुलनेंत 5,54,034 इतल्या कैद्यांक बंदखणींत दवरिल्ले[20]. हातूंतले 1,22,852 दोशी आशिल्ले; आनी उरिल्ले 4,27,165 कैदीं आड न्यायचवकशी चालू आसा.

22. अन्यायकारक बंदखणीचो धोको असो की, कैद्यांक "बंदखणवास" भोगपाची जोखीम आसता, जाचें वर्णन केरळ उच्च न्यायालयान '*अ कन्व्हिक्ट प्रिजनर विरुद्ध स्टेट*'[21] हातूंत 'उग्र सुदारणां परिवर्तन' (radical transformation) म्हणून केलां, जाचे वरवीं कैदी:

> "आपली वळख वगडायता. ताका एका आंकड्या वरवीं वळखतात. तो वैयक्तीक मालमत्ता वगडावन बसता. ताचे कसलेच वैयक्तीक संबंद नासतात. स्वातंत्र्य, दर्जो, मालमत्ता, प्रतिश्ठा, वैयक्तीक जिणेची कसलीय स्वायत्तता वगडायल्ले खातीर मानसीक त्रास उप्रासतात. बंदखणींतल्या कैद्यांची संस्कृती भिरांकूळ आशिल्ल्याचें दिसून येता. कैदी सामान्य मानकां प्रमाणें आक्रमक जाता. आत्मचिंतन बदलता."

“23. फुडें कैदी गुन्यांवा कडेन वळपाचो धोको आसता, “कारण गुन्यांव फकत प्रशंसनीयूच न्हय तर गुन्यांव जितलो वेवसायीक तितलो गुन्यांवकाराक चड मान फावो जाता.”[22] (1940 वर्सा प्रकाशीत जाल्लें डॉनाल्ड क्लेमर हांचें ‘द प्रिझन कम्युनिटी’ पळोवचें[23]). बंदखणवासाचे आनीक घातक परिणाम आसात- जंय आरोपी सामकोच सकयल्या अर्थीक वर्गांतलो आसा: तांची उपजिविका वचप, आनी खुबश्या प्रकरणांनी कुटुंब विस्कळीत जावप तशेंच कुटुंबीक बंध नश्ट जावप आनी समाजा पसून अलिप्त रावप भोगचें पडटा. म्हणुनूच न्यायालयांनी ह्या पैलूचे बाबतींत संवेदनशील आसूंक जाय (किद्याक तर निर्दोश मुक्त जाल्या उपरांत आरोपीचें लुकसाण भरून येवप कठीण), आनी खास करून खाशेले कायदे कडक तरतुदीं लागू करून अशा प्रकरणांत न्यायचवकशी चलोवन बेगोबेग पूर्ण जातले, हाची खात्री करूंक जाय.

24. वयर दिल्ल्या कारणां खातीर, अपीलकर्ताक न्यायचवकशी न्यायालय लादतलें त्या अटींचे अधीन रावन जामिनाचेर सोडपाचे निर्देश दिता. वयल्या अटीं प्रमाणें अपील मान्य जाता. खर्चाचे बाबतींत आदेश ना.

..................................

**(न्यायाधीश एस. रविंद्र भट)**

.......................................

**(न्यायाधीश दिपांकर दत्ता)**

नवी दिल्ली,

28 मार्च 2023

नग क्र. 1501 न्यायालय क्र. 14 विभाग II-सी

भारताचें सर्वोच्च न्यायालय

न्यायप्रक्रियेचो अभिलेख

फौजदारी अपील क्र. 943 / 2023

मोहम्मद मुस्लिम उर्फ हुसेन ... अपीलकर्ता

विरुद्ध

राज्य (एन.सी.टी. दिल्ली) ... प्रतिवादी

(न्यायाधीश मानादीक एस. रविंद्र भट आनी मानादीक दिपांकर दत्ता हांणी सुनावणी घेतली)

आयए क्र. 4901 / 2023 – आक्षेपीत निकालाची सी/सी दाखल करपा पसून सूट

आयए क्र. 4905/ 2023 – ओ.टी. दाखल करूंक सूट

आयए क्र. 4897 / 2023 – अतिरिक्त कागदपत्रां / तथ्यां / परिशिश्टां दाखल करूंक परवानगी

तारीख : 28-03-2023 आयज ह्या प्रकरणाचेर सुनावणी जाली.

कोरम : मानादीक श्री. न्यायाधीश एस. रविंद्र भट

मानादीक श्री. न्यायाधीश दिपांकर दत्ता

अपीलकर्ताचे वतीन :

श्रीमती तानया अगरवाल, वकील

श्री. अजय सिंग, वकील

श्रीमती शुभांगी तुली, एओआर

प्रतिवादीचे वतीन :

श्री. विक्रमजीत बॅनर्जी, एएसजी

श्री. श्रीकांत नीलप्पा तेरडाल, एओआर

श्रीमती नचिकेता जोशी, वकील

श्री. दिग्विजय दाम, वकील

श्री. सचीन शर्मा, वकील

श्री. राजन केआर. चौरासिया, वकील

श्रीमती श्रुती अगरवाल, वकील

श्रीमती जानव्ही प्रकाश, वकील

श्री. कार्तिक डे, वकील

वकिलांचें म्हणणें आयकून घेतकीच न्यायालयान मुखार दिल्लो आदेश दिलो.

मानादीक श्री. न्यायमुर्ती एस. रविंद्र भट हांणी मानादीक श्री. न्यायमुर्ती दिपांकर दत्ता हांच्या खंडपिठान प्रकाशन योग्य न्यायनिवाडो दिलो.

अनुमती मान्य जाली.

प्रकाशन योग्य न्यायनिवाड्याचो म्हत्वाचो भाग सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसा:

"23. फुडें कैदी गुन्यांवा कडेन वळपाचो धोको आसता, "कारण गुन्यांव फकत प्रशंसनीयूच न्हय तर गुन्यांव जितलो वेवसायीक तितलो गुन्यांवकाराक चड मान फावो जाता." (1940 वर्सा प्रकाशीत जाल्लें डॉनाल्ड क्लेमर हांचें 'द प्रिझन कम्युनिटी' पळोवचें). बंदखणवासाचे आनीक घातक परिणाम आसात- जंय आरोपी सामकोच सकयल्या अर्थीक वर्गांतलो आसा: तांची उपजिविका वचप, आनी खुबश्या प्रकरणांनी कुटुंब विस्कळीत जावप तशेंच कुटुंबीक बंध नश्ट जावप आनी समाजा पसून अलिप्त रावप भोगचें पडटा. म्हणुनूच न्यायालयांनी ह्या पैलूचे बाबतींत संवेदनशील आसूंक जाय (किद्याक तर निर्दोश मुक्त जाल्या उपरांत आरोपीचें लुकसाण भरून येवप कठीण), आनी खास करून खाशेले कायदे कडक तरतुदीं लागू करून अशा प्रकरणांत न्यायचवकशी चलोवन बेगोबेग पूर्ण जातले, हाची खात्री करूंक जाय.

24. वयर दिल्ल्या कारणां खातीर, अपीलकर्ताक न्यायचवकशी न्यायालय लादतलें त्या अटींचे अधीन रावन जामिनाचेर सोडपाचे निर्देश दिता. वयल्या अटीं प्रमाणें अपील मान्य जाता. खर्चाचे बाबतींत आदेश ना.

सय केल्ल्या प्रकाशन योग्य न्यायनिवाड्याच्या अटींक धरून अपील मान्य केल्या.

सगळे प्रलंबीत अर्ज निकालांत काडटात.

(नीता सप्रा) (मॅथ्यू अब्राहम)

कोर्ट मास्टर (एस एच) कोर्ट मास्टर (एन एस एच)

(स्वाक्षरीत प्रकाशन योग्य आदेश फायलींत घातला)

**अस्विकरण**

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वियन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.*

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**

1 [1979] 3 एससीआर 1276: (1980) 1 एससीसी 81

2 (1981) 3 एस.सी.सी. 671

3 [1991] पुरवणी 3 एस.सी.आर. 325: (1992) 1 एस.सी.सी. 225

4 तारीख 08.09.2022 ह्या दिसा जामीन अर्ज क्र. 2675 / 2022 हाचेर दिल्लो आदेश.

5 ए.एस.जे आनी खास न्यायाधीश (एन.डी.पी.एस), दक्षीण पूर्व जिल्लो, साकेत न्यायालय, नवी दिल्ली हांणी एफ.आय.आर. क्र. 148/2015 हातूंत तारीख 08.06.2022 ह्या दिसा दिल्लो आदेश.

6 अनुक्रमान, तारीख 10.12.2018 ह्या दिसा क्र. 2188/2018 ह्या जामीन अर्जाचेर दिल्ल्या आदेशा प्रमाणें आनी तारीख 26.07.2018 ह्या दिसा क्र. 944/2018 ह्या जामीन अर्जाचेर दिल्ल्या आदेशा प्रमाणें.

7 तारीख 03.05.2016 दिसा खास न्यायाधिशान दिल्लो आदेश; आनी तारीख 28.01.2022 दिसा खास न्यायाधिशान दिल्लो आदेश.

8 तारीख 24.07.2020 दिसा जामीन अर्ज क्र. 1859/2020 चेर दिल्लो आदेश.

9 [2001] पुरवणी 2 एस.सी.आर. 617: (2001) 7 एस.सी.सी. 673.

10 [1994] पुरवणी 4 एस.सी.आर. 386: (1994) 6 एस.सी.सी. 731.

11 [2008] 17 एससीआर 369: (2009) 2 एससीसी 281

12 [1994] 2 एससीआर 375: (1994) 3 एससीसी 569

13 [1996] 2 एससीआर 1123: (1996) 2 एससीसी 616

14 [2021] 2 एस.सी.आर. 443: (2021) 3 एस.सी.सी. 713

15 [2022] 6 एस.सी.आर 382: 2022 एस.सी.सी ऑनलायन एससी 929

16 (2022) 10 एस.सी.सी 51

17 कलम 436ए सकयल दिल्ले प्रमाणें तजवीज करता:

*“जरी एखाद्रो मनीस, हे संहिते खाला खंयच्याय कायद्या खाला गुन्यांवा खातीर अन्वेशण, चवकशी वा संपरिक्षा चालू आशिल्ल्या काळा मदीं (जाचे खातीर त्या कायद्या खाला दिल्ल्या ख्यास्तींतली एक ख्यास्त म्हणून मरणाची ख्यास्त निर्दिश्टीत केल्ली आसा असो गुन्यांव नाशिल्ल्या) जो कालावधी त्या अधिनेमा वरवीं त्या गुन्यांवा खातीर निर्दिश्टीत केल्ल्या चडांत चड काळा खातीरच्या अर्द्या परस चड काळा खातीर बंदखणींत आसा जाल्यार, न्यायालय त्या मनशाक जामीनपत्रा सयत वा जामीनपत्रा बगरचे व्यक्तीगत हमीपत्राचेर सोडटलें. पूण सरकारी अभियोक्त्याचें म्हणणें आयकतकीच आनी लिखीत स्वरुपांत नोंद करतलें अशा कारणां खातीर, न्यायालय, त्या मनशाक उल्लेखीत कालावधीच्या अर्द्या परस चड कालावधी खातीर बंदखणींत दवरूंक शकता वा जामीनपत्रा सयत वा जामीनपत्रा बगर जामिनाचेर मुक्त करूंक शकता.*

*पूण अशेंय आसा, की अशा खंयच्याच मनशाक कसलेच बाबतींत अन्वेशण, चवकशी वा संपरिक्षेच्या काळांत त्या कायद्या खाला त्या गुन्यांवा खाला तरतूद केल्ल्या चडांत चड कालावधी परस चड कालावधी खातीर बंदखणींत दवरूंक मेळचें ना.”*

18 तारीख 21.02.2023 दिसा प्रतिवादी राज्यान ह्या न्यायालया मुखार सादर केल्ल्या प्रती-प्रतिज्ञापत्रा प्रमाणें.

19 (2009) 2 एस.सी.सी 624

20 नॅशनल क्रायम रिकोर्ड्स ब्युरो, *प्रिजन स्टॅटिस्टिक्स इन इंडिया* https://ncrb.gov.in/sites/default/files/PSI-2021/Executive_ncrb_Summary-2021.pdf

21 1993 क्रि एल.जे. 3242

22 वर्कींग पेपर्स – ग्रूप ऑन प्रिझन्स एण्ड बोर्स्टल्स – 1966 यू.के.

23 डॉनाल्ड क्लेमर, द प्रिझन कम्युनिटी (1968) होल्ट, राइनहार्ट आनी विन्स्टन, जाचो उल्लेख टोमास सोबेकी, ‘डॉनाल्ड क्लेमरची कॉन्सेप्ट ऑफ प्रिझनायझेशन’, त आसा, फुडें दिल्ल्या

संकेतस्थळाचेर उपलब्ध आसा:https://www.tkp.edu.pl/wp-content/uploads/2020/12/Sobecki_sklad.pdf (तारीख 23 मार्च 2023 ह्या दिसा मेळयल्ली).